तत्वार्थगीता

शरतचंद्र शेणै

तत्वार्थगीता

श्रीमद् भगवद्गीतेचें सारसंग्रह.
श्रीभगवंताले मार्गदर्शनाचें आनी तत्वदर्शनाचें सारांश.

शरतचंद्र शेणै

Disha Institute of Konkani
Palluruthy, Kochi - 682006

अर्जुन

कृष्णा, हे रणभुंयेर उबे
बंधू मिगेले समस्त सगले.
पूजनीय हे गुरु, आचार्य
दायजी आनीक स्वंत कुलाचे.

म्हज्यान जायना हत्या हांगेली,
घोर पाप मू कुलाची हानी.
हीं दवरतां शस्त्रां मिगेलीं,
हत्ये पशीय मृत्यू मू बरी!

श्रीकृष्ण

सोडि अर्जुना विकल भावना
क्षात्रवीर तूं उठ धनुर्धरा!
रणभुंयेचेर कसलें दुःख हें
आंग अंतर दुर्बल करचें!

चंचल चिंतन सोडि अर्जुना
देही कदापि नाश पावना!
सदा आशिल्लो, सदा आसतलो!
उजो लाशिना, अस्त्र खोंबना!

जन्म घेतल्लो मृत्यु पावंतलो
मृत्यु पाविल्लो दुशेर येतलो!
आत्मो अनश्वर अविनाशी
न्हेसता वस्त्रां नवीं नवीं!

बाल्य धरून वार्धक्य कशी
देहाक मेळता सहज तशी
देहांतरांत वता देही
स्वता अव्ययी अविनाशी!

अर्जुन

कृष्णा, चंचल मन मिगेलें
मार्गदर्शन जाय तुगेलें!
धर्म - श्रेया मार्ग कसलो
सांग माका, हांव शिष्य तुगेलो!

श्रीकृष्ण

पार्था, जगाचें सुख दुःख
थंडी उष्ण येंवचे समान
इंद्रियभ्रमांत पडूनाका
जिक्वुका तांकां समचित्तान!

इंद्रियांक लागून रागद्वेष
विषयासक्तीन निपता ज्ञान
स्थैर्य मेळोवंका मनाक बुद्ध्येन
भितरचे शत्रूक करी हनन.

इंद्रियजनित समस्त जावो
आत्मसंयमा अग्नींत समिधा!
सुख, दुःख, जैत, पराजय
समभावान आपणावंका.

समभावान कर्म करतना
पुण्य पाप दोनीय लागना
फलासक्ति ना तरी ते कर्मान
कर्मीक कसलेंच बंधन ना.

कर्म प्रवृत्ती तुगेली वृत्ती
कर्मफलाचेर ना अधिकार.
आसूक नज फलाची इच्छा
कर्मत्यागूय अस्वीकार!

यज्ञरूपान आत्मशुद्धीक
ज्ञानपूर्व जाय कर्म करूक.
कर्मयोगीलें असलें कर्म
लीन जाता ब्रह्मांत सर्व.

लोकहिताक अचल मनान
	कर्म करी कर्तव्य म्हणून
ममत्व सोडून मिजेर अर्पून
	लड हें युद्ध धर्म म्हणून!

क्षात्रधर्माक श्रेष्ट हें रण
	धर्मपालन पुण्यप्रदायन.
धर्म चुकयल्यार निंदाकारण
	अपयश अवमती मृत्युसम.

रणभुंयेंचेर जीव दिल्यार
	स्थान मेळतलें स्वर्गाचेर.
रणांत जैत मेळ्ळें जाल्यार
	राज्य करतलो भूमीचेर.

स्वयं स्वताक उद्धारका
	स्वताचो हात सोडूनाका.
स्वय आपणूच स्वताचो बंधू
	स्वय आपणूच स्वताचो शत्रू!

जैत स्वताचेर जोडल्यार बंधू
हारवलो जाल्यार तो शत्रू.
स्वताक जिक्वून प्रशांत तुष्ट
स्थितप्रज्ञ जाताय वरिष्ट.

ज्ञान आनी विज्ञान जोडून
इंद्रियांचेर जैत जोडून
सुखादुःखांत एक मनान
आसता तो योगीक समान.

फातर भांगार समान ताका
कीर्ती अकीर्ती एक समान.
मित्र सज्जन शत्रु दुर्जन
बंधू गांवजन सर्व समान.

विषयचिंतनान नातें उपजता
नात्यान विषयासक्ती उपजता.
ताचान क्रोध, विवेकनष्ट
स्मृती, बुद्धी समस्त नष्ट.

ज्या इंद्रियार मन बेसता
तें ताका ओडून गुलाम करता.
इंद्रियदासाक बुद्धी आसाना
काममोहिताक शांती आसाना.

काम क्रोध लोभ हीं दारां
नरका काळखा कडेचीं दारां!
तृष्णा आसता नितांत शत्रू
घोर पापांक मुखेल हेतू.

काम क्रोध गर्व ममत्व
त्यजिल्लो प्रज्ञेन एकनिष्ट.
आशापाशांतुल्यान मुक्त
अनासक्त तो अचलवरिष्ट.

सत्वगुणीक भेदभाव ना
कर्म अहित म्हूण तनिक द्वेष ना.
हितकर्माचेर प्रीती मोग ना
कर्मफलाची करीना इच्छा.

कर्मांतुल्यान यज्ञ उपजता
ज्ञानयज्ञ तें श्रेष्ट आसता.
जाता भस्म ज्ञानाग्नींत
चंचल संशय सर्व समस्त.

मनाक सुस्थिर करूक दुष्कर
अनासक्त निष्ठेन सुलभ.
अविश्वास संशयांनी चंचल
संशयात्म्याक नाश निश्चित.

शुभकर्मीक सुलभ सद्‌गती
सुस्थिर मनान रजोविमुक्ती.
कर्मी ज्ञानी तपस्वी पशी
कर्मयोगी तो उच्चस्थानी.

जुळयता देहाक देही लागी
सात्विक राजस तमोगुण.
प्रभाव ना देहीचेर तांकां
भोगूका पुण फल देहान.

सत्वगुणाचें नातें आसता
        सुख आनीक ज्ञाना लागी.
सत्वगुणी देवांक पुजीता
        जाता ताचो उद्धार वयरी.

रजोगुणाक तृष्णे कडे
        सहज तराचें नातें आसता.
यक्ष राक्षस गणांक भजून
        मध्य तलार तिष्ठत आसता.

तमोगुणाचें नातें आसता
        आलस्या - माये लागी.
भूत - प्रेतांक सेवा करून
        खंडित जाता अधोगती.

फलेच्छेविणे विधी अनुसरून
        याग केल्यार तो सत्वगुणाचो.
फलेच्छेविणे श्रद्धेन निष्ठेन
        तप केल्यार तें सत्वगुणाचें.

फलकांक्षेन नांवां महिमेक
याग केल्यार तो राजसिक.
फल इच्छून गर्व काडून
तप केल्यार तें राजसिक.

अश्रद्धेन आनी विधी चुकोवन
याग केल्यार तो तामसिक.
विमूढचिंता दुर्बुद्ध्येन
तप केल्यार तें तामसिक.

देवांची गुरुंची पूजा,
अहिंसा, अशी तप देहाचें.
वेदपठन की हितसंभाषण,
सत्यकथन बी वाङ्मय तप तें.

पूर्ण मनान फलेच्छेविणे
सुपात्रदान सात्विक आसता.
कर्मफलाचो त्याग केल्यार
त्याग तसलो सात्विक आसता.

फल इच्छून अर्द मनान
        करचें दान तें राजसिक.
दु:ख क्लेश निमित्त करचो
        कर्मत्यागूय राजसिक.

अनुचितवेळार अनादरान
        अपात्रदान तामसिक.
मायेन, अविवेकान केलोलो
        कर्मत्यागूय तामसिक.

अनेकजीवांत एकब्रह्म
        हेंच आसता ज्ञान सात्विक.
फलासक्ति नातिल्लें कर्म
        कर्म तें आसता सात्विक.

अनेक जीवांत अनेक जीव
        असलें ज्ञान राजसिक.
फल इच्छून कर्म केल्यार
        कर्म तें आसता राजसिक.

देहांत मग्न क्षुद्र असत्य
तसलें ज्ञान तामसिक.
मायेन अविवेकान केलेलें
कर्म बी आसता तामसिक.

कसली प्रवृत्ती कसली निवृत्ती
कार्य - अकार्य, बंधन - मोक्ष
ह्या द्वंद्वांक सारखी समजुपी
बुद्धी ती आसता सात्विक.

ह्या द्वंद्वांचो समज ना तरी
बुद्धी ती आसता राजसिक.
समज पुरायेन उलटो जाल्यार
तसली बुद्धी तामसिक.

मनाचें इंद्रियांचें नियंत्रण
करता तसलें धैर्य सात्विक.
फलासक्तिचें धैर्य राजसी
मदमात्सर्या धैर्य तामसी.

पयलीं दिसता विषाचे वरी
        तेंच मागीर दिसता अमृत!
आत्मज्ञानांत उपजून येवपी
        सुख तें आसता सात्विक.

इंद्रियजन्य विषयासक्त
        पयलीं गोड रजोसुख.
परिणामान तेंच मागीर
        जाता निजान कोडु वीख.

आसता अशी तमोसुख
        आद्यवसान मोहदायक.
निद्रा आदी भ्रम रूपान
        निदायता तें आत्म्याक.

स्थावर जंगम प्राणीसंचय
        नश्वर आनी क्षर बी आसता.
ह्या क्षेत्रांत आत्मो अनश्वर
        तो क्षेत्रांक शोभित करता.

आदी अंत नातिल्लो अव्यय
        परमात्मा पुरुषोत्तम हांव!
अंश मात्र हो अनंत विश्व
        पळय अर्जुना चिन्मयरूप!

अर्जुन

अहो! विस्मय चिन्मयरूप
        अनुपम असुलभ दिव्यस्वरूप!
सहस्त्र सूर्या सम चैतन्य
        अवर्णनीय विराट्स्वरूप!

हे विश्वेशा, विराट्स्वरूपा,
        पुनःपुनश्च नमन तुका!
दर्शन मात्रेन विह्वल जालां
        पूर्वरूप तूं धरी आतां!

श्रीकृष्ण

पार्था, हांव रे अव्यक्त रूपी!
मिज्यान पूर्ण प्रपंच भरला!
चराचरांचे भितर मात्र न्हय
मिज्यांत सर्व चराचर आसता!

आदी की अंत नातिल्लों हांव.
सर्वभूतांचो अधीश आसा.
खंयचेय देवाक पुजता एकलो
माकाच ती पूजा पावंता आसा!

धर्म राकूक एकेक युगान
जन्म घेतां हांव स्वंत मायेन.
शिष्ट जनांक राकून घेतां
दुष्ट जनांक ना करतां.

धर्म केद्दाण निस्तेज जाता
भुंयेर अधर्म वाड्डून येता
हांव तेदना परत जन्मतां
पृथ्वीर धर्म पुनःस्थापितां.

भक्त मिगेले चार तराचे
        तसलो आसा तांचो नियोगू.
ज्ञानी, दुःखी, धनाचे कांक्षी,
        ज्ञाना खातीरचो जिज्ञासू.

दिकता माका जो सर्वांत
        तो मिज्यांत सर्व पळयता.
माका वळखता तोच खर्यान
        थेट वळखता हांवय ताका.

भक्तिपूर्व जो दिता माका
        दळ की फूल की फल की जल
अर्पण तें स्वीकार करतलों
        भक्ति तागेली निजी निर्मल.

जे माका भजतात थीर मनान
        करतात मिगेली उपासना
निष्ठावंत भक्त तांगेलें
        क्षेम आनी ऐश्वर्य राकितां.

नाश जावंचो ना केन्नाच तरी
        निजाच्या मिगेल्या भक्ताचो.
निष्ठेन भजपी दुराचारी तांय
        अंतीं शांती प्राप्त करतलो!

असलो भक्त माका प्रियंकर
        अचल मनान माका भजूचो
द्वेष नातिल्लो दया दाकोवंचो
        क्षमा गुणाचो तुष्ट भावाचो.

असलो भक्त माका प्रियंकर
        स्वार्थ त्यजिल्लो गर्व नातिल्लो
समदृष्टीन समभावान
        आत्मसंयमु स्वता जोडिल्लो.

शरण माका जो पावंता पार्था
        अचल मनान जो भजिता
ताचेर हांव प्रसन्न जातां
        ताका भवाचे पार पावंयता!

पार्था, तुवें करचें समस्त
अर्पण करी माका सहस्त.
मिजेर दवर बुद्धी तुगेली
कर्म करी तूं माका आठयत.

समस्त धर्म त्याग करून
शरण पांव तूं माका अर्जुना!
समस्त पापां थाकून मुक्ती
तुका दितलों हांव तेदना!

आयकून मिगेलीं उतरां आतां
उद्देलीं व्हय कीं ज्ञाना किरणां?
अज्ञान कारण उपजल्ली माया
निकळून गेली कीं सांग पार्था?

अर्जुन

मायेचें पाश तुंटून आतां
संदेह संशय गेलो सनातना!
उद्देलें ज्ञान कर्तव्य करतां
तुगेलीं उतरां पालन करतां!

भगवद्गीतेक शतनमन
हृदयांतर्गत हरिकथन
शरतचंद्र कृत अनुकवन
गीतासार कृष्णार्पण..

शरतचंद्र शेणैलीं पुस्तकां -

- अंतरनाद (केन्द्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- आत्मायन (डॉ. टी.एम.ए. पै प्रतिष्ठान पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- इदं न मम (विश्वकोंकणी कविता कृती पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- श्रीकृष्णकथासुधा (अष्टोत्तरशतश्लोकी काव्य)
- मीरा, जीवन आनी कवन (देवकी कृष्ण ट्रस्ट पुरस्कार प्राप्त परिभाषा)
- रसिक रसायन (संस्कृती आनी साहित्य संबंदी लेखनांचो संग्रह)
- श्रीवेंकटेश सुप्रभात (परिभाषा)
- परणें घर (बालसाहित्य)
- अनिश्चित (नवलिका)
- लोकधन (केरळांतुल्या कोंकणी लोकसाहित्याची वळख)
- गीत सरोवर (भावगीत, भक्तिगीत आनी बालगीत)
- कोंकणी सचित्र प्राथमिक (भाषासहायी)
- साहित्य संकलन (संपादित साहित्य संग्रह)
- काव्योद्यान (संपादित कविता संग्रह)
- साहित्यदीप्ति (संपादित साहित्य संग्रह)
- नंदादीप (संपादित साहित्य संग्रह)
- अक्षरगीता (गीताश्लोकांतुल्यान देवनागरीचो परिचय)
- കൊങ്കണി ഭാഷാ പഠന സഹായി (पदावली सहित भाषासहायी)
- മലയാളം കൊങ്കണി ക്രിയാപദാവലി (क्रियापदावली)
- കൊങ്കണി നമ്മുടെ മാതൃഭാഷ (लघुपदावली)
- പൊൻതിരി (कोंकणी काण्यांची परिभाषा)
- Script, A Scientific Contemplation (Essays from Konkani)
- Saga of the Uprooted (*Khanda Kavya* from Konkani)
- A Handbook for writing Better Konkani (with a Vocabulary)